# <u>पत्रकारांनी लोकांचो आवाज जावपाचो मुख्यमंत्र्याचो उलो</u>

ता. 16 नोव्हेंबर 2023

राज्य सरकार अंत्योदय, सर्वोदय आनी ग्रामोदय तत्वांचेर राज्य आनी जनतेच्या उदरगती खातीर काम करता. पत्रकारांनी सकारात्मक पत्रकारितेतल्यान सरकारच्यो लोककल्याणकारी येवजणो आनी प्रगतीची म्हायती लोकांमेरेन पावोवपाचे काम करून अंत्योदय, सर्वोदय आनी ग्रामोदय संकल्पनेचे उद्दीश्ट पुर्ण करपाक योगदान दिवचे, असो उलो मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सामंत हांणी मारला.

मुख्यमंत्री आयज म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान गोंय संपादक मंडळ, गोंय पत्रकांर संघ, गोंय फोटो पत्रकांर संघटना, इलेक्ट्रॉनिक माध्यम पत्रकांर संघटना, खेळां पत्रकांर संघटना आनी दक्षीण गोंय पत्रकांर संघटनेच्या जोड पालवान पणजे इन्स्टिट्यूट मिनेझिस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत राष्ट्रीय पत्रकारिता दीस कार्यक्रमाचे मुखेल सोयरे म्हूण उलयताले.

फुडें उलयतना डॉ. सावंत हांणी सांगलें, राज्यांतल्या पत्रकारांचे प्रस्न सोडोवपा बाबतीत सरकारचे सदाच प्राधान्य आसता. आपल्या मुख्यमंत्री पदाच्या काळांत पत्रकारांच्या कल्याणाखातीर पेन्शन येवजण आनी हेर कल्याणकारी येवजणांची यशस्वी अंमलबजावणी केली. पत्रकारांक ई-बायक विकती घेवपाक अर्थिक मजत दिवपा खातीर येवजण तयार करपाचे काम निमाण्या टप्प्यार आसा आनी ह्या येवजणेची रोखडीच अंमलबजावणी जातली, अशें तांणी सांगलें.

राज्याच्या विकास धोरणां बाबातीत सरकारा कडल्यान जावपी चुको आनी उणीवो पत्रकारांनी नदरेक हाडून दिवच्यो, जेणे करून तातूंत सुदारणा करून लोकांक बरे प्रशासन आनी सेवा दिवप शक्य जातले. तशेंच पत्रकारांनी कांय बिगर सरकारी संघटनाकडल्यान स्वताचे हित सादपाखातीर सरकाराआड जावपी आरोपांविशीं खरें कित्ये आनी फट कित्ये हे जनतेच्या नदरेक हाडून दिवचे, अशेंय तांणी सांगलें.

पत्रकारांनी लोकांचो आवाज जावन समाजाच्या हिताखातीर काम करपा वांगडाच समाजमदीं फटीच्यो बातम्यों प्रसारीत करपाच्या प्रवृत्तीक आळो घालपा खातीर प्रसार माध्यमांनी म्हत्वाची भुमिका निभावपाची गरज आसा, अशें तांणी सांगलें.

गोवा पत्रकार संघटनेचे अध्यक्ष श्री. राजतिलक नायक हांणी राज्यांत पुर्ण वेळ पत्रकारिता अभ्यासक्रम सुरू करपा बाबातीत केल्ल्या मागणीचो उल्लेख करून मुख्यमंत्र्यान गोंयांत तीन म्हाविद्यालयांनी असो अभ्यासक्रम आदीच सुरू केल्ल्याचे सांगलें.

ह्या वेळार पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ज्येश्ठ पत्रकार श्री. प्रमोद खांडेपारकर हांका मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं जीणेगौरव पुरस्कार भेटोवन तांचो भोवमान केलो. श्री. खांडेपारकर हांणी आपल्या स दशकांच्या पत्रकारितेतलो अणभव सांगलो आनी पुरस्कारा खातीर सरकारचे उपकार मानले.

तशेंच ज्येश्ठ पत्रकार आनी नवहिंद टायम्साचे संपादक विजय डिसोझा, द गोवन एव्हरीडेचे वरिश्ठ पत्रकार एश्ली रूझारियो, दैनिक गोमंतकचे वरिश्ठ पत्रकार विलास (शेखर) महाडिक, गोमंतकाचे वरिश्ठ पत्रकार नरेंद्र तारी, लोकमताचे वरिश्ठ पत्रकार विठ्ठल सुकडकार हांचो पत्रकारितेंतल्या योगदानाखातीर ह्या वेळार मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं सत्कार जालो.

तशेंच राष्ट्रीय एकात्मता आनी सामाजीक सलोखो पत्रकारिते खातीर गोवन वार्ताचे संपादक श्री. पांडुरंग गांवकार हांका आनी ग्रामीण पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री. मुरारी शेट्ये हांका पुरस्कार भेटयलो. बायला, भुरगीं आनी सामाजीक विशयावयल्या बातमी खातीर प्रुडंट मिडियाचे श्री विवेक प्रभू हांका, खेळां पत्रकारितेखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया चे श्री मार्कुस मर्गुलाव्ह हांका आनी कला आनी संस्कृती पत्रकारितेखातीर गोवन वार्ताचे अजय लाड हांका पुरस्कार भेटयलो.

उत्कृश्ट छायाचित्रकार पुरस्कार ( वर्साचे उत्कृश्ट छायाचित्र) टाईम्स ऑफ इंडिया चे (गोंय आवृत्ती) श्री. हेमंत परब हांका, शिक्षणीक पत्रकारितेखातीर प्रुडंटाचे श्री. स्वप्निल तारी हांका आनी सरकारच्या प्रगतीचेर लिखाणाखातीर टाईम्स ऑफ इंडिया च्यो गौरी मळकर्णेकर हांका पुरस्कार भेटयलो.

तशेंच म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यान आयोजीत फोटा सर्तीतल्या जैतिवंतांक ह्या वेळार इनामां भेटयली.

गोवा पत्रकार संघटनेचे अध्यक्ष श्री. राजतिलक नायक हांणी पुरस्कार जैतिवंतांची म्हायती दिली.

सुरवातीक "डिजिटल, मोबायल आनी सोशल मीडियाच्या प्रभावांत पत्रकारितांतली आव्हांना आनी संद" ह्या विशयाचेर चर्चासत्र जालें. तातूंत टाईम्स इंडियाचे खेळां संपादक मार्कूस मेरगुल्हाओ, प्रुडेट मीडियाचे वरिश्ठ पत्रकार महेश घाडी, डिजिटल गोवाचे निरज नायक, ज्ञानप्रसारक मंडळ म्हाविद्यालय आनी संशोधन केंद्राचें सहयोगी प्राद्यापक श्रीपाद मर्चंट हांणी वाटो घेतलो. वासुदेव पागी हांणी चर्चासत्राचे संयोजक आशिल्लें.

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे संचालक श्री. दीपक बांदेकर हांणी येवकाराच्या उलोवपात राष्ट्रीय पत्रकारिता दिसाचे म्हत्व सांगलें आनी पत्रकारांच्या कल्याणा खातीर खात्यावतीन अंमलबजावणी करपात येवपी येवजणांची म्हायती दिली.

कु. विश्वजा फळदेसाय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. सहाय्यक म्हायती अधिकारी श्री. श्याम गांवकर हांणी निमाणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/880

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.